Aakashwani Panaji Regional news 7.25 AM 22nd March 2026

Rashmi

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी भारत सरकाराचे पिवपाचें उदक आनी स्वच्छता खाते, जल शक्ती मंत्रालय आनी गोंय सरकार हांचे मदीं 'जल जीवन मिशन २.०' खाला जाल्ल्या समजिकाय कबलातीचेर ऑनलायन पद्धतीन सय केली. ह्या वेळार केंद्रीय जल शक्ती मंत्री सी. आर. पाटील , गोंयचे पिवपाचें उदक आनी समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय आनी हेर वरीश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले गोंयान १००% दरेक ग्रामीण घरांत नळाचें उदक पावोवपाचें काम पूराय केलां अशी म्हायती मुख्यमंत्र्यांनी दिली. ह्या घट बुन्यादीचेर आदारून, आतां जल जीवन mission २.० खाला सेवेची गुणवत्ता, सुस्थिरता आनी दीर्घकालीन कार्यक्षमतेचेर भर दितले.ह्या कबलातीरवी डिजिटल प्लॅटफॉर्म, डॅशबोर्ड, जिओ-टॅगिंग आनी रिअल-टाइम डेटा हांच्या वरवीं देखरेख दवरपाची प्रगत प्रणाली,पारदर्शकता, कार्यक्षमता आनी उदक सेवा व्यवस्थापन सुदारपा खातीर नव्या तंत्रज्ञानाचो वापर,मानवी संसाधनांचे क्षमतावर्धन आनी प्रशिक्षण, जातूंत गांव पावंड्यार उदक व्यवस्थापन पंगडां खातीर कौशल्य विकास कार्यक्रमांचो आस्पाव आसा.बुन्यादी सुविधा कायमस्वरूपी चालू उरपा खातीर स्थिर संचालन आराखडो चालीक लावपाक भर दितले अशे ह्या वेळार मुखेलमंत्र्यानी म्हणला.

Sushant

फाटल्या 79 वर्सां सावन शिक्षणाच्या मळार उल्लेखनीय वावर करपी आनी जायत्यो यशस्वी विद्यार्थ्यांच्यो पिळग्यो निर्माण करपी आयडियल एज्युकेशन सोसायटीचे शिक्षण संकुल केप्या हांगा बांदपाचे आसा. या भव्य शिक्षण संकुल प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर शेनवारा 28 मार्चाक घालतले.समाज कल्याण मंत्री आनी शिक्षण संकुल समितीचे अध्यक्ष सुभाष फळदेसाय हांच्या हस्तुकी हो सुवाळो सकाळीं 11 वरांचेर जातलो.

काल केपे हांगा आयोजीत केल्ले पत्रकार परिशदेंत मंत्री फळदेसाय हांणी ही म्हायती दिली.

HSSC

गोंय शालांत मंडळाचो बारावी फेब्रुवारी २०२६ परीक्षेचो निकाल ब्याण्णव पूज्य शाण्णव टक्के इतलो लागला. कालसांजे ५ वरांचेर शालांत मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेटये हांणी परवरी कार्यालयात निकालाची रीतसर घोशणा केली. सविस्तर निकाल असो आसा.

कला फांटो - ९२. २१ टक्के
वाणिज्य फांटो - ९२.९० टक्के

विज्ञान फांटो - ९३. ९० टक्के आनी व्यावसायीक फाटो ९२. २७ टक्के इतलो लागला. वट्ट १७ हजार २८३ विद्यार्थी परीक्षेक बशिल्ले तांतूतले १६ हजार ६५ विद्यार्थी पास जाले. पणजी , नुवें आनी पिलार केंद्राचो निकाल १०० टक्के लागला जाल्यार सगळ्यांत उणो म्हळ्यार ८१ टक्के इतलो निकाल माशेल केंद्राचो लागला.

Bharat electricity

भारताच्या ऊर्जा क्षेत्रातल्या फुडारा संधर्भात चर्चा करपाखातीर आनी नवकल्पना प्रदर्शित करपाखातीर, भारत सरकारच्या ऊर्जा मंत्रालयामार्फत,आयोजित केल्लो 'भारत इलेक्ट्रिसिटी समिट' हा जागतिक व्यासपीठ, सध्या नवी दिल्लीतल्या यशोभूमीत सुरु जालो. देशांतल्या सगळ्या वीज वितरण कंपनीं DISCOMs मदीं 'वीज वितरण' मळार गोंयान तिसरी सुवात मेळयल्या.वीज आनी नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री सुदीन ढवलीकार हाणी भारत इलेक्ट्रिसिटी समिट वांगडाच जाल्ल्या ऊर्जा मंत्र्यांच्या बसकेंत भाग घेतलो. ऊर्जा मंत्री  मनोहर लाल खट्टर हाणी ह्या बसकेची येजमानकी चलयली.देशभरात राज्यांत तिसरी सुवात मेळय्ल्या खातीर धवलीकर हाणी खोस

उक्तायली आणि या यशाचे श्रेय वीज खात्याच्या नियोजित आनी सुव्यवस्थित कार्यपद्धतीक दिले.

मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणा खाला वीज खात्यान मुळाव्या साधनसुविधांचो विकास आनी वीज वितरण जाळ्याचे आधुनिकीकरणा संबंदीत जायते महत्वाकांक्षी प्रकल्प यशस्वीपणान चालीक लायल्यात

Sanquelim

कोयर वेवस्थापनांत शाळा आनी थळाव्या संस्थांनी केल्ल्या यत्नांचो भोवमान करपा खातीर सांखळेंत Smart Waste Champion पुरस्कार घडोवन हाडलें. Sampurna Earth Environment Solutionsच्या सहकार्यान, गोदरेज कंज्युमर प्रोडक्ट्स लिमिटेडच्या सीएसआर कार्यावळी खाला दिल्ल्या तेक्यान गोंयच्या मिनरल फावंडेशनान हो उपक्रम घडोवन हाडलो. ह्या कार्यावळीक गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळ आनी गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान आदार दिलो. सर्ती अंतर्गत नवदुर्गा हायस्कूल (पाले) आणि युनिटी हायस्कूल (वाळपई) हांका पुरस्कार दिवन सन्मानित केले.

Weather

पणजी वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण राज्यांत चडांत चड तापमान 33°C नोंद जाला जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 23°C नोंद जाला

Sports

आयएफएल 2025-26 सर्तींत गोकुलम केरलान धेंपो एससीक 2-0 गोलान हारयले. ह्य सर्तींत गोकुलमाचे हें पयलें जैत थारलें.दोनूय पंगडांनी आक्रमक सुरवात केल्ली.

मात, 19व्या मिणटाक गोल करून गोकुलमाक 1-0 अशी आघाडी मेळोवन दिली. ह्या जैतान गोकुलम पांचवे सुवातेर पावलो, जाल्यार धेंपो क्लब तळाक उरलो.